# राजभवनावयले बोन्साय उद्यान  भारतातल्या सरकारी संस्थांतले सगळ्यांत व्हड बोन्साय उद्यान

ता. 7  ऑगस्ट  2024

गोंयच्या राजभवनावयले वामन वृक्ष कला उद्यान – बोन्साय उद्यान हे भारतातल्या सरकारी आस्थापनां/प्रशासकीय संस्थांतले सगळ्यांत व्हड बोन्साय उद्यान थारिल्ले आसा. ह्या उद्यानात कुंड्यांनी 1000 बोन्साय झाडां आसात.

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत  राजभवनावयल्या वामन वृक्ष कला उद्यानात  भारतीय आयुर्वेदाचे जनक आचार्य चरक आनी शस्त्रक्रिया क्षेत्रांतले जनक आचार्य सुश्रृत ह्या दोगांचो पुतळो उबारपाच्या कामाचो शुभारंभ केलो, तशेंच राजभवन आवारांतल्या नुतनीकरण केल्ल्या पेंवपा तलावाचे आनी कपडे बदलपाच्या कुडीचे उक्तावण केले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं राज्यपाल मदत निधीतल्यान 160 कॅन्सर दुयेंतीक मेळून 40 लाख रूपया रक्कमेचे धनादेश वितरीत केले.

ह्या वेळार उलयताना राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आचार्य चरक आनी आचार्य सुश्रृत हांच्या आयुर्वेदीक वैजकी क्षेत्रातल्या योगदानाचो उल्लेख करून आचार्य चरक आनी आचार्य सुश्रृत हे दोगीय  पुरातन भारतीय वैजकीय शास्त्रातले पुज्य व्यक्तिमत्वां आसात. आयुर्वेद हो आमच्या संस्कृतीचो भाग आसा. देशाचे पुनरूत्थान आमच्या परंपरेचेर आदारून आसा आनी ह्या प्रक्रियेत गोंयच्या इतिहासात पयलेच फावट हे पुतळें बसोवपात येता.

फुडें उलयताना राज्यपालान म्हणलें, आचार्य सुश्रृत हे न्हय फकत भारतातले जाल्यार संवसारांतले एक नावाजलेले वैज आशिल्लें. चरक संहिते सयत सुश्रृत संहिता हे भारतातले उपेगी पुरातन वैजकीशास्त्र आसा. आचार्य सुश्रृत हांचो पुतळो मेलबॉर्नात नामनेच्या रॉयल ऑस्ट्रेलियन सर्जन कॉलेजीत प्रदर्शीत केल्लो आसा, अशीय म्हायती राज्यपालान दिली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राजभवनावयले वामन वृक्ष कला उद्यान विद्यार्थ्यांखातीर आकर्शण थारतले. विद्यार्थ्यांक वेगवेगळी बोन्साय झाडां पळोवपाक आनी तांचेर संशोधन करपाक प्रेरणा मेळटली, अशें सांगलें.

आचार्य चरक आनी आचार्य सुश्रृत हांचे पुतळे तयार करपाच्या कामाक सुरवात जाल्ली आसून ऑगस्टाच्या निमाणे मेरेन ते पुर्ण जातले.

सुरवातीक राज्यपालाचे सचीव श्री. एम. आर. एम. राव हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. विशेश अधिकारी श्री. मिहिर वर्धन हांणी बोन्साय गार्डन आनी आचार्य चरक आनी आचार्य सुश्रृत हांचे पुतळे बसोवपाच्या संकल्पनेची म्हायती दिली.

ह्या वेळार उपस्थितांमदीं  राज्यपालाची घरकान्न श्रीमती रिता श्रीधरन पिल्लई, आदले खासदार आनी पत्रकार श्री.बलबिर पुंज, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती स्नेहा गिते, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अश्विन चंद्रु, गोंय वाद्यापिठाचे कुलगुरू श्री. हरिलाल मेनन, राज्यपालाचे अतिरिक्त सचीव श्री, संजीव सी. गावस देसाय हांचो आसपाव आशिल्लो.

श्रीमती श्रेया गुरव हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी श्री. निलेश वांयगणकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/   / विगां/ 2024/375

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.